**गोंय मुक्ती चळवळींतलो पयलो हुतात्मो बाळा राया मापारी हांच्या उगडासाक आर्गां ओपली**

ता. 18 फेब्रुवारी 2025

पोर्तुगिजांच्या हुकूमशाय सत्तेतल्यान गोंयांक स्वतंत्र करपा खातीर गोंय मुक्ती चळवळींत अनेक लोकांनी उडी घेतली आनी तांच्या मदलो एक आशिल्लो युवा आनी धाडशी तरणाटो सर्गेस्त बाळा राया मापारी, जाका 26 वर्सा पिरायेचेर मुक्ती चळवळीच्या झुजात मरण आयले आनी तो मुक्ती चळवळींत हुतात्मो जाल्लो पयलो सुटके झुजारी थारलो, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज अस्नोडा बार्देस हांगा म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय मुक्ती चळवळींतले पयले हुतात्मा बाळा राया मापारी हांच्या 70 व्या पुण्यतिथी निमतान आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

कार्यक्रमाचे आयोजन गोवा भंडारी समाज आनी बाळा राया मापारी स्मारक देखरेख समितीच्या सहकार्यान केल्ले. बाळा राया मापारी हांणी गोंय मुक्ती चळवळीचो ध्यास घेवन स्वता जावन मुक्ती चळवळींत उडी घेतली. तांणी दाखयिल्लें शौर्य आनी धाडसातल्यान गोंय मुक्ती चळवळीक नेट आयलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सरकारान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या कुटुंबाच्या कल्याणा खातीर खूप काम केल्ले आसून गोंया भायल्या स्वातंत्र्य सैनिकांचोय उगडास करून तांच्या कुटुंबीयांक अर्थिक मजत केल्ली आसा. तातूंतलो असोच एक स्वातंत्र्य सैनिक हरयानातलो बेनिपाल सिंग, तांच्या घरकांनीक सरकारान 10 लाख रूपयांची अर्थिक मजत दिल्या, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो इतिहास राखून दवरपाक सरकार प्रयत्न करता आनी तांच्या उगडासाक आर्गां ओपता, जेणे करून युवा पिळगेक गोंयचो इतिहास आनी सुटके झुजाऱ्यांनी गोंय मुक्ती खातीर केल्ल्या त्यागाची जाणीव जावपाक मजत जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी आमी स्वातंत्र्य सैनिकांचे उपकारी आसात, तांच्या त्यागाक लागून आमी स्वातंत्र्य भोगतात. सरकारान हालीच 14 स्वातंत्र्य सैनिकांच्या कुटुंबांक 10 लाख रूपयांची अर्थिक मजत भेटयल्या, अशें सांगलें.

नुस्तेमारी मंत्री नीळकंठ हळर्णकर हांणी गोंय मुक्ती चळवळीच्या काळात अस्नोडा हे केंद्र आशिल्लें आनी बाळा राया मापारी हांणी मोठे धाडस आनी शौर्य दाखले अशें सांगून आयच्या युवकांनी बाळा राया मापारी सारख्या सुटके झुजाऱ्यांच्या त्यागा पासून प्रेरणा घेवपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार हुतात्मा मापारी हांची धुव श्रीमती लक्ष्मी चंद्रकांत चोडणकर, नेहरू युवा केंद्राचे संचालक कालिदास घाटवळ, राष्ट्रीय ओबीसी महासंघाचे गोंयचे प्रमुख मधू नाईक, उपाध्यक्ष नोनू नाईक, हुतात्मा मापारी हांचे पुतणे ज्ञानेश्वर मापारी, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक दीपक बांदेकर, म्हायती अधिकारी ऑल्विन पेरेरा, किरण मुननकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लं.

जिल्हा पंचायत वांगडी दिक्षा कानोळकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. अस्नोडाचे सरपंच मेघश्याम चोडणकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/156

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.